## <u>बोट मालकांक कळोवणी</u>

ता. 19 मे 2020

कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान सगळ्यों बार्जी, प्रवासी लाँची, फेरीबोटी, नुस्तेमारी ट्रॉलर, पर्यटक बोटी, कृईज बोटी, पनेळ, होडी आनी हेर यांत्रिकी आनी बिनयांत्रिकी बोट मालकांक पावसाळ्यात आपल्या बोटींनी आनी तारवांनी उदक सांचून उरचे न्हय म्हुण आवश्यक उपाय घेवपाक कळीत केला. पावसाळ्यात सांचून उरिल्ल्या उदकांत जळारांची पैदास जाता आनी मलेरिया, डेंग्यु, चिकनगुनिया ह्या सारखी दुर्येंसा पातळटात.

बार्जीनी सांचलेले उदक नियमित उपसूचे. बार्जींक बांदिल्ल्या टायरांनी उदक सांचूक दिवचे न्हय आनी त्याखातीर टायरांक सकयले वटेन उदक भायर वचपाक बुराक करचो. ल्हान बोटी, पनेळ, होडी तारपोलिनान वेवस्थित धापून दवरची आनी जर उदक सांचले जाल्यार ते उपसूचे.

तशेंच बार्जी, बोटी, ट्रॉलर वा जेटींचेर काम करपी कामगारांची मलेरिया तपासणी करपाची आनी भलायकी सेवा संचालनालया कडल्यान हेल्थ कार्ड घेवपाची गरज आसा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/266

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA